राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो १८.११.२०२५ @ 8.40 am

भारत विकसित आनी आत्मनिर्भर जावपाक उत्सुक आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां

बिहारांत नव्यान वेंचून आयिल्ले भाजपाचे आमदार आयज पाटणांत बसका घेवन आपलो फुडारी वेंचून काडटले

भूताना मधल्या भगवान बुद्धांच्या पवित्र अवशेषांच्या प्रदर्शनाची मुदत या महिन्याच्या २५ तारखे मेरेन एका सप्तकान वाड्यल्या.

ISSF रायफल आनी पिस्तूल संवसारीक वसतादपण सर्तींत भारतीय शूटर गुरप्रीत सिंगान दादल्यांच्या 25 मीटर सेंटर पिस्तूल फायर सर्तींत रुप्या पदक जिखलें.

फिडे बुध्दिबळ विश्वचषक 2025 खातीर अजूनय शर्यतीत आशील्लो  एकमेव भारतीय अर्जुन एरिगाईसीन  क्वार्टर फायनल मॅचींत चीनाच्या वेई यी हाका बरोबरीत दवरलो

मोदी 120

भारत विकसित आनी आत्मनिर्भर जावपाक उत्सुक आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां. संवसाराक आडमेळी येवपाची भिरांत आसतना भारत आत्मविस्वासान वाटचाल करता अशे नवी दिल्लींत 6वें रामनाथ गोएंका व्याख्यान दितना मोदी हांणी सांगलें byte FUTURE

प्रधान मंत्यानी असे प्रतिपादन केले की भारत फक्त एक उदेती बाजारपेठ न्हय तर एक उदेतो मॉडेल लेगीत आसा. त्यांनी अधोरेखित केले की आज जग भारतीय विकास मॉडेलाक आशेन  मॉडेल म्हणून पळयता. मोदी हाणी म्हणाले की, २०२२ त, युरोपीय संकटान जागतिक पुरवण साखळी आणि ऊर्जा बाजारपेठांर परिणाम केला, जाचो पुराय जगार परिणाम जाला आणि तरीय, २०२२-२३ मेरेन भारताची आर्थिक वाढ नेटान सुरू उरल्या. २०२३ त पश्चिम आशियातली परिस्थिती बिघडली आसली तरी, भारताचो विकास दर मजबूत उरला आणि या वर्साय, जागतिक अस्थिरतेच्या फाट भुंयेर भारताचो विकास दर ७ टक्क्यांच्या आसपास आसा. Byte GROWTH

बिहार 110

बिहारांत नव्यान वेंचून आयिल्ले भाजपाचे आमदार आयज पाटणांत बसका घेवन आपलो फुडारी वेंचून काडटले. हालींच जाल्ले बिहार विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपान  89 जागे जीकले. हे बसकेक पक्षाचे निरिक्षकूय हाजीर रावपाचे अशें बिहार भाजपाचे अध्यक्ष दिलीप जयसवाल हांणी सांगलें.फाल्यां पाटणांत जनता दल (युनायटेड) विधीमंडळ पक्षाचे फुडारी वेंचपा खातीर बसका जावपाची शक्यताय आसा. JDU  नव्यान वेंचून आयिल्ल्या आमदारांची बसका काल जावपाची आशिल्ली पूण कारण सांगिनासतना ती फुडें धुकलली. JDU विधीमंडळ पक्षाचे बसकेच्या वेळापत्रकांत बदल जाले उपरांत आयज जावपाची आशिल्ली एनडीए विधीमंडळ पक्षाची बसकाय फुडें धुकलपाची शक्यताय आसा. दरेक एनडीए घटक पक्ष आपल्या विधीमंडळ पक्षाची बसका घेवन आपलो फुडारी वेंचून काडटलो, उपरांत एनडीए विधीमंडळ पक्षाची संयुक्त बसका जातली.नव्या मंत्रीमंडळाचो सोपूत विधी सुवाळो ब्रेस्तारा पाटणाच्या गांधी मैदानार जातलो.

NIA 70

लाल किल्ल्या परिसरातल्या गाडयेच्या स्फोट प्रकरणांत आस्पाव आशिल्ल्या आतंकवाद्याच्या आनीक एका मुखेल सहाय्यकाक राष्ट्रीय तपास एजन्सी कडल्यान अटक केल्या. काश्मीरी रहिवासी जसीर बिलाल वाणी हांकां श्रीनगरांतल्यान अटक केल्या. एजन्सीच्या म्हणण्या प्रमाण वानीचेर हो आतंकवादी हल्लो करपा खातीर तंत्रीक मजत दिल्ल्याचो आरोप आसा. वाणीन ड्रोनांत बदल करून स्फोटा पयलीं रॉकेट तयार करपाचो यत्न केल्याचें

एनआयएन उक्तें केलां. तशेंच वानी हो ह्या हल्ल्याचो सक्रीय सह-षड्यंत्रकारी आशिल्लो आनी आतंकवादी उमर नबी हांचे वांगडा काम करून आतंकवादी नरसंहाराची येवजण आंखली अशें म्हणला

राष्ट्रपती 100

१६ व्या वित्त आयोगाचे अध्यक्ष डॉ. अरविंद पनगढियाच्या फुडारपणाखाला सदस्यांनी राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मूची भेट घेतली. सोशल मीडिया पोस्टात राष्ट्रपती मुर्मूनी माहिती दिली की बसके वेळार आयोगान २०२६-२०३१ मजगतीचो अहवाल सादर केलो. संविधानाच्या कलम २८० च्या कलम (१) प्रमाण राष्ट्रपतींनी सोळावो वित्त आयोग स्थापन केला. अर्थ मंत्रालयान सांगले की, त्यांच्या कार्यकाळात, आयोगान केंद्र आणि राज्यांच्या आर्थिक स्थितीचे तपशीलवार विश्लेषण केला आणि केंद्र सरकार, राज्य सरकार, वेगवेगळ्या स्तरांवेले थळाव्यो स्वराज्य संस्था आणि हेर क्षेत्रातल्या तज्ञांकडे व्यापक सल्लामसलत केल्या हो उपरांत अहवाल तयार केला. भारतीय संविधानाच्या कलम २८१ अंतर्गत केंद्रीय अर्थमंत्र्यांनी संसदेत हो अहवाल सादर केल्या उपरांत तो भाशिक क्षेत्रात उपलब्ध जातलो, अशे मंत्रालयान सांगले.

बुद्ध 70

भूताना मधल्या भगवान बुद्धांच्या पवित्र अवशेषांच्या प्रदर्शनाची मुदत या महिन्याच्या २५ तारखे मेरेन एका सप्तकान वाड्यल्या. सांस्कृतिक मंत्रालयान म्हणला की, हो विस्तार भारत आणि भूतानमदी खोल सांस्कृतिक आणि आध्यात्मिक बंधांक अधोरेखित करता आणि भूतानच्या लोकांकडच्यान या प्रदर्शनाबद्दल मेळील्या प्रचंड भाशिक आदर प्रतिबिंबित करता. हे प्रदर्शन भारत-भूतान संबंधांमदी एक महत्वपूर्ण घटना आसा ज्याका लगुन एक समान बौद्ध दायज मनयतात . संसदीय कामकाज आणि अल्पसंख्याक व्यवहार मंत्री किरेन रिजिजूच्या शिष्टमंडळाच्या फुडारपणाखाला एका विशेष विमानान हे अवशेष भारतात हाडटले

SIR 70

खाशेल्या सघन पुनरावृत्ती म्हण्ल्यार SIR हे प्रक्रिये खाला सुरवाती सावन पुरायपणान नवी वेंचणूक वळेरी तयार करप ह्या मुखेल हेतान देशभरांतल्या एसआयआर प्रक्रियेची तारीख मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी जाहीर केली. ते खातीर पुराय देशभरा सयत गोयातूय BLO म्हण्ल्यार बूथ लेवेल अधिकारी घरा घरानी फिरून फोरमा वाटतात. हे विशी मतदारांनी गणनेचो फॉर्म सादर करचो आणि स्वच्छ, अद्ययावत आणि वेवस्थित मतदार वळेरी तयार करपाक मदत करची .हे विशी आय्कात DISTRICT ICON प्रदीप आनंद नाईक हांचे म्हणणे BYTE

आयोग 70

वेचणूक आयोगान माहिती दिली की, ४ नोव्हेंबराक विशेष सघन सुधारणा, एसआयआर टप्पा २ सुरू जाल्यापासून मतदारांमदी ५० कोटींपरस चड जनगणना फॉर्म वितरित केल्या. या टप्प्यात समाविष्ट जावपी एकूण ५१ कोटी मतदारांपैकी हे ९८ टक्के आसा. उत्तर प्रदेशात सर्वाधिक १५.२७ कोटीं परस चड अधिक फॉर्म वितरित केले. पश्चिम बंगालात ७.६३ कोटीं परस चड फॉर्म वितरित केले.

दुसऱ्या टप्प्यात, वेचणूक आयोगान णव राज्यां आणि तीन केंद्रशासित प्रदेशांमदी एसआयआर सुरू केला. सध्या सुरू आशिल्लो जनगणना पावंडो ४ डिसेंबरामेरेन सुरू उरतलो

EC 60

वेंचणूक आयोगान आसामांतल्या वेंचणूक वळेरिची खाशेली सुदारणा करपाचो आदेश दिला. जातून पात्रताय तारीक 1 जानेवारी 2026 आसा. आसामाच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याक बरयल्ल्या पत्रांत आयोगान सांगलां की, एकीकृत स्वरूपाची वेंचणूक वळेरीच्या प्रकाशनाची तारीख फुडल्या म्हयन्याची 27 आसतली. जाल्यार दावे आनी हरकत दाखल करपाची निमाणी तारीख 27 डिसेंबर ते 22 जानेवारी 2026 ह्या काळांत आसतली.वेंचणूक वळेरीच्या प्रकाशनाची निमाणी तारीख 10 फेब्रुवारी 2026 आसतली.

NMCG 50

राष्ट्रीय स्वच्छ गंगा अभियान NMCG च्या ६७ व्या कार्यकारी समितीच्या बसकेत, गंगा देंगणात वैज्ञानिक न्हंय व्यवस्थापन आणि प्रदूषण कमी करपाक मुखेल संशोधन प्रकल्पांक मंजुरी दिल्या. महासंचालक राजीव कुमार मित्तल नवी दिल्लीत जाल्या बसकेचे अध्यक्षस्थानार आशिल्ले. भूगर्भशास्त्र विभागाच्या दीर्घकालीन न्हंय देंगणातल्या व्यवस्थापनात विज्ञान, एआय साधनां आणि रिअल-टाइम हायड्रोलॉजिकल मॉडेलिंग एकठाय करपाच्या N M C Gच्या धोरणातल्या प्रगतीचे दर्शन घडयतले.

यादव 50

केंद्रीय पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हांणी पक्षांची परिशद (सीओपी) 30 ही अंमलबजावणीची सीओपी आनी आश्वासनां पुराय करपाची सीओपी म्हणून लक्षात दवरपाचो उलो मारला. विकसीत देशांनी हवामानाची चड महत्वाकांक्षा दाखोवची आनी आपलीं वचनबद्धताय पाळची अशें तांणी सांगलें. यादव हाणी भारताची उत्सर्जन तीव्रता 2005 वर्सा सावन 36 टक्क्यां परस चड उणी जाल्या अशेंय सांगले .

ISSF 45

इजिप्तांतल्या कायरो शारांत जाल्ल्या ISSF रायफल आनी पिस्तूल संवसारीक वसतादपण सर्तींत भारतीय शूटर गुरप्रीत सिंगान दादल्यांच्या 25 मीटर सेंटर पिस्तूल फायर सर्तींत रुप्या पदक जिखलें. हाचे वांगडाच भारतान चॅम्पियनशिपांत तीन भांगरा, स रुप्या आनी चार कांस्य पदकां सयत वट्ट 13 पदकां मेळोवन तिसऱ्या सुवातेर आपली मोहीम सोंपयली.

चेस 30

फिडे बुध्दिबळ विश्वचषक 2025 खातीर अजूनय शर्यतीत आशील्लो एकमेव भारतीय अर्जुन एरिगाईसीन सोमारा गोंयच्या रिओ कन्व्हेंशन सेंटरांत जाल्ले क्वार्टर फायनल मॅचींत चीनाच्या वेई यी हाका बरोबरीत दवरलो. ही मॅच बेगीन सोंपली आनी फक्त 31 चाली आनी 59 मिनटां चलली.

IMD 70

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य प्रदेशांत थंडीची लाट तीव्र जावपाचो अदमास काडला. उदेंत राजस्थान, छत्तीसगड, मराठवाडा, तेलंगणा, मध्य महाराष्ट्र आनी विदर्भा हांगाय अशीच परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा. आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे आनी तमिळनाडू पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा आयज काय सुवातानी पावस पडटलो असो अदमास दीला.